14.07.2025 7.20 pm

चोडण रायबंदर मार्गाचेंर रोरो फेरीबोट सेवेचे लोकार्पण आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले

गोयचे  राज्यपाल म्हण आदले केंद्रीय नागरी उड्डाण मंत्री पुसापती अशोक गजपती राजू हांका नियुक्ती केल्या

गोंय राज्य उच्च शिक्षण मंडळान ' करीयर उडान ' कार्यावळीखाला वेवसाय मार्गदर्शन शिबिराचें आयोजन

गोयची सर्वांगी उदरगत जावपाक  अंत्योदय, सर्वोदय आणि ग्रामोदय या मळाचेर सरकाराचो वावर चालू आसा अशे  मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें.

Rashmi 190

चोडण रायबंदर मार्गाचेंर रोरो फेरीबोट सेवेचे लोकार्पण आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले.सध्या गोंयांत आठ जलमार्गाचेंर  फेरीबोट सुरु आसा. फुडारात रो- रोरो फेरीबोट सेवा ह्या मार्गाचेंर सुरु करपाचो सरकाराचो चार आसा अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.देशात रो- रो फेरीबोट सेवा सुरु करपी गोंय हे पयले राज्य जावन आसा. पीपीपी मॉडेल तत्वाचेर  फेरी सेवा विजय मरीनकडच्यान प्रत्येकी २५ कोटींच्यो  फेरी चलयतले. सरकार दर महिन्यात  फक्त ४० लाख रुपया  आणि डिझेल शुल्क दितले हे विषयी  मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी सांगले byte CM

आयज  गंगोत्री आनी द्वारका ह्या नावाच्यो  अत्याधुनिक यंत्रणेचेर आदारीत दोन रो- रो फेरीबोट सेवा सुरु जाल्या. फकत सात मिनटांन ह्यो फेरीबोटी आर - पार अंतर काडटली. जाल्यार  पयली बशेन अर्दे अर्दे वर  फेरीबोटीची वाट पळोवच्या  परस फकत 12 मिनिटां भितर प्रवाशांक आता आलतडच्या पलतडी वचपाक  ह्या पेरीबोटीच्या माध्यमातल्यान शक्य जातले अशें अंर्तगत जलमार्ग खात्याचे मंत्री सुभाश फळदेसाय हांणी सांगले. मंत्री सुभाश फळदेसाय हांच्या हस्तुकी फेरीबोटीचे धर्मिक विधीवत  पुजा करुन लोकार्पण केले.  Byte subhash

केंद्रिय वीज राज्यमंत्री आनी उत्तर गोंयचे खासदार श्रीपाद नायक तशेंच राज्यसभेचे खासदार  सदानंद शेट तानावडे हांणी ह्या फेरीखातीर  फेरीबोटीची बरी सेवा प्रवाशांक मेळटली, तशेचं  पर्यटकांखातीर लेगीत हे विशेश आर्कर्शण आसतले आशें म्हणला, ह्यावेळार मयेचे आमदार  प्रेमेंद्र शेट हाजीर आशिल्ले.

Ganesh 150

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी आज हरियाणा आणि गोयात नवीन राज्यपाल आणि लडाखात नवीन उपराज्यपालांची नियुक्ती केली. आदले केंद्रीय नागरी उड्डाण मंत्री पुसापती अशोक गजपती राजू हांका गोयचे  राज्यपाल म्हण नियुक्ती केल्या तर प्रो. आशिम कुमार घोष हरियाणाचे राज्यपाल आसतले. कविंदर गुप्ता हांची लडाखच्या उपराज्यपालपदार नियुक्ती केल्या. लडाखचे उपराज्यपाल ब्रिगेडियर निवृत्त डॉ. बी. डी. मिश्रा हांचो राजीनामोय राष्ट्रपतींन स्वीकारला. राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लय हांचो कार्यकाळ सोपपाक आयिल्ल्यान नव्या राज्यपालांची नेमणूक जाल्या. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे सयत हेर मंत्री तशेच राजकी पक्षांनी तांचे नेमणुकेक येवकार दिला. राजू हे २५ वर्सां परस चड काळ आंध्र प्रदेश राज्य विधिमंडळाचे वांगडी आशिल्ले आनी १३ वर्सां आंध्र प्रदेश सरकारात मंत्री आशिल्ले. तांणी वाणिज्य कर, उत्पादन शुल्क, विधान वेव्हार, वित्त, नियोजन आनी महसूल ही खातीं सांबाळ्ळयांत. ह्यान पयलीं तांणी भाजपा आनी ताचे पयलीं तेलुगू देसम पार्टी ह्या पक्षांन व्हड  भूमीका निभायल्या. २०१४ ते २०१८ ह्या काळांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या सरकारांत ते नागरी उड्डाणमंत्री आशिल्ले.

DIP 160

राज्यपाल पी एस श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज पणजी शारांतले श्री महालक्ष्मी देवस्थान, जामा मस्जिद आनी अवर लेडी ऑफ इमॅक्युलेट कन्सेप्शन चर्चीक भेट दिवन आपल्या "खुशाल कल्याण यात्रेची सांगता केली. श्रीमती रिता श्रीधरन पिल्लई ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ल्यो. राज्यपालान आपल्या खुशाल कल्याण यात्रे निमतान भेट दिल्ल्या राज्यांतल्या सगल्या धार्मिक थळांक मेळून सुमार 20 लाख रूपया देणगी दिली.श्री महालक्ष्मी देवस्थानात गौरिष धोंड आनी देवस्थान समितीच्या हेर वांगड्यांनी राज्यपालांक येवकार दिलो. राज्यपालाक शाल भेटोवन देवस्थान समितीच्या वतीन सत्कार केलो.जामा मस्जिदीत शेख हसन मुस्ताफा हांणी फुला भेटोवन राज्यपालाक येवकार दिलो.उपरांत

राज्यपालान अवर लेडी ऑफ इमॅक्युलेट कन्सेप्शन चर्चीक भेट दिली. पॅरीश प्रिस्ट फा. सिप्रियान डिसिल्वा आनी फा. हेस्टन फर्नांडिस हांणी राज्यपालाक येवकार दिलो.खुशाल कल्याण यात्रेत  राज्यपालान  धार्मिक थळांक भेट दिवन गोंय आनी देशांत शांतीकाय, खुशालकाय आनी  लोककल्याणा खातीर प्रार्थना केली. तशेंच भेट दिल्ल्या धार्मिक थळांक दर एक 50,000/- रूपयांचो चेक भेटयलो.राज्यपाला वांगडा राज्यपालांचे सचीव संजीव गावस देसाय; राज्यपालांचे विशेश अधिकारी निवृत्त आयएएस आर. मिहिर वर्धन,इतिहासकार संजीव सरदेसाय, राजभवनातले  अधिकारी ए. कल्याण हर्ष आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

SUBHASH 90

गोंय राज्य उच्च शिक्षण मंडळान ११वी आनी १२ वेच्या विद्यार्थ्यांखातीर ' करीयर उडान ' कार्यावळीखाला वेवसाय मार्गदर्शन शिबिराचें आयोजन केलां. पयल्या पांवड्यार हे शिबिर फोंडा तालुक्यातल्या तशेंच लागसरच्या वाठारातल्या उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यां खातीर १७ जुलै सकाळी १० ते १२ वरां मजगती फोंडेंच्या राजीव गांधी कला मंदीर सभाघरांत जातलें. वेवसाय मार्गदर्शन वाठारातले तज्ञ तशेंच मनोहर पर्रीकर शिष्यवृत्ती फावो जाल्ले विद्यार्थी ह्या शिबिरांत मार्गदर्शन करतले. दरेक शाळेंतल्यान उणेंच २० विद्यार्थी आनी १ शिक्षक ह्या शिबीराक उपस्थित रावंचे अशें आवाहन गोवा राज्य समर्थ ई पोर्टलाचे प्रकल्प संचालक डॉ. महादेव गांवस हांणी केलां

PRASAD 170

स्टँडर्ड एपॉक्सी  मडकई ह्या कंपनीत लायन्स क्लब ऑफ फोंडान वन महोत्सव मनयलो. फोंडा लायन्स क्लबाचे अध्यक्ष शिवप्रसाद साळकर, लायन्स क्लबचे उपप्रांतपाल सुदेश बोरकर स्टँडर्ड एपॉक्सीचे मालक सोहन केळेकर आनी हेर मानेस्तनी झाडां लावन रान महोत्सव मनयलो. ह्या वेळार कंपनीच्या आवारांत सुमार 50 फळां आनी वखदी झाडां लायलीं. रान महोत्सवा उपरांत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत उलयतना सुदेश बोरकर हानी आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या "एक पेड मा के नाम" ह्या विशयांतल्यान रान महोत्सव सगळ्यांनी मनवचें आनी आपणे लायिल्ल्या रोपांची बरी जतनाय घेवची अशें मत उक्तायलें. आमचें गोंय गिरेस्त आनी नदरेक पडपी सोबीतकायेक लागून संवसारभर फामाद आसा. ही गिरेस्त सैमीक सोबीतकाय तिगोवन दवरपाचें काम दरेका नागरिकान

करप गरजेचें अशेंय तांणी सांगलें. ह्या वेळार उलयतना सोहन केळेकर हांणी आतां मेरेन  लायन्स क्लब,रान खात्यान वेगवेगळ्या संघटनां आनी पंचायतीं वरवीं पुराय गोंयांत ही कार्यावळ सुरू केल्या अशें सांगलें. शिवप्रसाद साळकर हानी आपल्या येवकार भाशणांत लायन्साचे वांगडी संवसारभर ही वनमोत्सव कार्यावळ घडोवन हाडटात अशी म्हायती दिली. झाडां रोवपाची आनी झाडां जिवीं दवरपाची कल्पना आपणावन आपली भोंवतणची सुवात पाचवी करपा खातीर सगळ्यांनी हातभार लावचो अशें तांणी सांगलें.

DIP 120

उत्तर गोंय जिल्हो न्यायदंडाधिकाऱ्यान 21 जुलय मेरेन जावपी राज्य विधानसभेच्या पावसाळी अधिवेशन सत्र काळांत पर्वरीच्या विधानसभा प्रकल्पा सरभोवतणच्या 500 मिटर वाठारांत आनी पणजी पुलीस स्टेशनाच्या क्षेत्रांतलो खंयचोय भौशीक जागो, पायण, गल्ली, रस्तो, चौक वा खंयच्याय उकत्या जाग्यांचेर पाच वा चड व्यक्ती जमा जावपाक आनी मिरवणूक काडपाक वा आयोजीत करपाक, आर्मां वा लाठीं, तरसादीं, भालें वा सुऱ्या सारखी शस्त्रां लागीं बाळगूपाक, लाऊडस्पिकराचो वापर करपाक, घोशणां दिवपाक आनी माराण लावपाक बंदी लागू केल्या. कामावयले लोकसेवक, परवानगी आशिल्ले लग्न सुवाळे, अंतविधी वा खंयचोय खास प्रसंग वा जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, प्रसंग जाका संबंदीत जिल्हो न्यायदंडाधिकारी, अतिरिक्त जिल्हो न्यायदंडाधिकारी वा उपविभागीय न्यायदंडाधिकाऱ्यां कडल्यान पुर्व लेखी परवानगी घेतल्या ताका ही बंदी लागू ना.हो आदेश ता. 21 जुलय  सकाळी 10.00 वरांचेर लागू जातलो आनी विधानसभा अधिवेशन सत्र सोपमेरेन लागू उरतलो.

RAJESH 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी यांचे विकसित भारत 2047 तशेच गोंय सरकारचे विकसित गोवा 2037 चे सपन पुराय जावप ही काळाची गरज आसा. आनी हाका लागुन धा  वर्सा आदी गोयची सर्वांगी उदरगत जावप गरजेचे आसा आणि हाकाच लागून अंत्योदय तत्वाचेर गोंय सरकार काम करत असताना अंत्योदय, सर्वोदय आणि ग्रामोदय या मळाचेर सरकाराचो वावर चालू आसा अशे मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणीं उक्तायलें. दिवचल मतदार संघातल्या

मेणकुऱ्यां हांगा 10 एमएलडी वॉटर ट्रीटमेंट प्लांट च्या बुनियादी फातर बसोवपाच्या सुवाळ्यांत मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत उलयताले. byte दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटेये हाणीं सांगलें की हो प्रकल्प पुराय जातकूच मतदार संघातलो उदकाचो एक मुखेल प्रश्न सुटावो जावपाक मदत जातलीं .

SPORTS 60

फोंडाच्या स्पोर्ट्स कॉम-एक्सत अव्वल मानांकित एरोन फारियास आणि दुसऱ्या मानांकित चंदन कॅरो यांनी ऑल गोआ मेजर रँकिंग टेबल एनिस टूर्नामेंटत -१९ वर्सा सकयल्या चलयाच्या अंतिम फेरीत स्थान मेळयलें.

१९ वर्षांसकयल्या चलयाच्या बरोबरीत, अव्वल मानांकित इशिता कोलासोने तिची नाबाद धावसंख्या कायम दवरली, उर्वी सुर्लाकरन ३-० असा पराभव □□□□

IMD 55

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 31.4 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 26 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले सात दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता वारे वराक 30 ते 40किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 50 किलोमीटर इतलो वाडू येता देखून नुसते मारानी हे काळात खोल दऱ्यांत वचचे न्ही अशे वेधशाळेन कळीत केला